22 March 2025 सकाळी - 8.40

मुखेल खबरो

- केंद्रीय घर मंत्री अमित शाहा हाणी सांगला, कि प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या सरकारान आतंकवाद, उग्रवाद आनी नक्षलवाद सोपपाच्या वाटेर आसा.

- सुगम्य भारत अभियाना वरवीं, दिव्यांजानाक सशक्त करून, तांचो समान सहभाग सुनिश्चीत करपाचो सरकार यत्न करता, अशे राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हिणे सांगला.

- आयज संवसारीक उदका दिस मनयतात.

आनी

- इंडियन प्रिमियर लीग 2025ची, 18वी आवृत्ती आयज सावन सुरू. उक्तावणाचो खेळ कोलकाता नाइट रायडर्स आनी रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू आड, आयज सांजे कोलकाताच्या ईडन गार्डन्स स्टेडियमांत जातलो.

घरमंत्री - 260

केंद्रीय घरमंत्री अमित शाहा हाणी, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला, सरकारान, आतंकवादाचेर शून्य सहिश्णुताय धोरणाची पुश्टी केल्या, अशे सांग्ला. काल राज्यसभेंत घर मंत्रालयाच्या कामगिरीचेर जाल्ले चर्चेक जाप दितना मंत्रि शाहा हाणी, फाटल्या धा वर्सांत सरकारान राजकी इत्सा आनी तंत्रगिन्यानाचो वापर करून, राष्ट्राची सुरक्षीतताय घटमूट केल्या, अशे सांगलें. देशाचा प्रगती आनी उदरगतीक आडमेळीं हाडपी, तीन व्हड आव्हानांक तोंड दिवचें पडता. जम्मू-काश्मीरांत आतंकवाद, डावपेचवादी अतिरेकी आनी ईशान्येतले बंड. ह्या सगळ्या आव्हानांक सरकारान हाताळ्ळा, अशें तांणी सांगलें.

एनडीए सरकाराच्या काळांत जम्मू-काश्मीरांत आतंकवादाक लागून मरण येवपाचें प्रमाण, 70 टक्क्यांनी उणें जालां आनी आतंकवादी घडणुकोय व्हड प्रमाणांत देंवल्यात, अशें तांणी नदरेक हाडलें. कलम 370 रद्द करून, नरेंद्र मोदी सरकारान संविधान तयार करप्यांचें 'एक संविधान, एक ध्वज' हें सपन पुराय केलें. उरी आनी पुलवामा हांगा जाल्ल्या आतंकवादी हल्ल्या उपरांत, धा दिसां भितर भारतान पाकिस्तानाचेर हल्लो केल्ल्यचे, तांणी स्पश्ट केलें. फुडल्या वर्सा मार्च मेरेन भारतांतलो नक्सलवाद ना जातलो, हाचेर घरमंत्र्यानि भर दिलो. नक्सल बाधित वाठारांनी रस्त्यांची जोडणी आनी इंटरनॅट सुदारल्या, नव्यो बँको आनी एटीएम उगडल्यात. सत्तेर आयले उपरांत, मोदी सरकारान ईशान्येक आशिल्ल्या सगल्या सशस्त्र संघटनां कडेन औपचारीक उलोवणी केल्या, अशेंय तांणी सांगलें. 2019 सावन आयज मेरेन 12 म्हत्वाच्यो शांतताय कबलाती जाल्यात, अशें तांणी मुखार सांगलें. 10 हजार 900 तरणाटे शस्त्रां सोडून, मुखेल प्रवाहांत आयल्यात, अशी म्हायती तांणी सभाघराक दिली. देशाच्यो शिमो आनी अंतर्गत सुरक्षा घटमूट करपा खातीर, सर्वोच्च बलिदान दिवपी हजारांनी राज्य पुलीस आनी केंद्रीय सैन्य दळाच्या कर्मचाऱ्यांचेय, ताणी उपकार मानले. घुंवळी वखदांचेर कारवाय करताना, फाटल्या पांच वर्सांत, 14 हजार कोटी रुपयां परस चड मोलाचीं, 23 हजार किलो घुंवळी वखदां, नश्ट केल्यात. ड्रोन, उपग्रह आनी आधुनीक तंत्रगिन्यानाचो उपेग करून, घुंवळी वखदांच्या धोक्याक तोंड दिवपाक लागल्यात, अशेंय घरमंत्र्यांनी सभाघरात सांगले.

President Murmu -

वंचित वर्गा कडेन आशिल्ली संवेदनशीलताय देशाची वा समाजाची प्रतिश्ठा थारायता अशें राष्ट्रपति द्रौपदी मुर्मू हांणी सांगलां. काल सांजवेळार राष्ट्रपती भवनांत जाल्ल्या पर्पल फेस्ट कार्यावळीक मार्गदर्शन करतना ताणी सांगलें

की , करुणा, समावेशकता, आनी एकचार हीं भारतीय संस्कृताय आनी संस्कृतायेचीं मुल्यां जाल्यांत. वेगवेगळ्या दिव्यानगजनक आनी लोकांच्या जिविताचेर तांचो परिणाम हांचे विशीं जागृताय करप आनी समाजांत दिव्यानग आशिल्ल्या व्यक्तींची समजूत, मान्यताय आनी आस्पाव वाडोवपाचो हेतू 'पर्पल फेस्ट'चो आसा.. सुगम्य भारत अभियाना वरवीं दिव्यांजानाक सशक्त आनी समान सहभाग सुनिश्चीत करपाचो सरकार यत्न करता हाची खोस राष्ट्रपति मुर्मू हांणी उक्तायली.समाजीक न्याय आनी सशक्तीकरण मंत्रालयाच्या खाला दिव्यानग आशिल्ल्या व्यक्तींच्या सशक्तीकरण खात्यान काल नवी दिल्लीच्या राष्ट्रपती भवनांतल्या अमृत उद्यानांत दिव्यांजनाच्या प्रतिभेची, कृती, आनी आकांक्षांची परब मनयपी दीसभर चलपी 'पर्पल फेस्ट' घडोवन हाडली. राष्ट्रपति द्रौपदी मुर्मूय फेस्ताक भेट दिवन दिव्यांजनाच्या सांस्कृतीक सादरीकरणांक साक्षीदार जालयो .समाजीक न्याय आनी सशक्तीकरण मंत्री विरेंद्र कुमार हांणी कार्यावळीच्या उक्तावण अधिवेशनाचे अध्यक्षपद सांबाळ्ळे.प्रसार माध्यमां कडेन उलयतना मंत्री विरेंद्र कुमार हांणी सांगलें की, 2016 वर्सा अपंगत्व आशिल्ल्या व्यक्तींचे हक्क कायदो सुरू जाले उपरांत ह्या कायद्यान अपंगत्व आशिल्ल्या व्यक्तीं मदीं सुलभताय, आत्मविस्वास आनी आत्मनिर्भरताय खूब वाडयल्या, तांकां सशक्तीकरणाची खात्री जाल्या. ताणें फुडें सांगलें की ह्या वर्साच्या पर्पल फेस्टांत 65 हजार नोंदणी जाली, तातूंत सुमार 25 हजारांनी सक्रीयपणान वांटो घेतिल्लो. ह्या कार्यक्रमांत मंत्रीन अपंगत्व आशिल्ल्या व्यक्तींनी तयार केल्ल्या उत्पादनांचें प्रदर्शन-सह-विक्रीय भेट दिली.

Water Day - 90

संवसारीक उदका दीस आयज मनयतात. हो दिस गोड्या उदकाचें म्हत्व जाणवता आनी उदका संसाधनांचें शाश्वत वेवस्थापन करपाचो दिस थरता . संवसारभरांतल्या उदकाच्या संकश्टाक तोंड दिवपा खातीर जागृताय करप आनी कृती करपाक प्रेरणा दिवप हो संवसारीक कार्यावळीचो हेत आसा. 2030 मेरेन सगळ्यां खातीर उदक आनी नितळसाण सुनिश्चीत करपाचो हेतू आशिल्ल्या शाश्वत उदरगत ध्येय (एसडीजी) 6 कडेन हाचो संबंद आसा.संवसारीक गोड्या उदकाची पुरवण सांबाळपाक हिमखंडांची म्हत्वाची भुमिका आनी हवामान बदला

मुखार संवर्धन उपायांची बेगोबेग गरज हाचेर भर दिवन अंदूं संवसारीक उदक दिसाचो विशय 'हिमखंड संरक्षण' आसा.देशभरांत आनी संवसारभर उदका संवर्धन विशीं जागृताय करपा खातीर जायत्यो कार्यावळीं जातात.

**Break**

Maritime -

भारत-युरोपीय संघाचो चवथो दर्यावेल्या सुरक्षा संवाद काल नवी दिल्लींत जालो. भारतीय शिश्टमंडळाचें फुडारपण विदेश वेव्हार मंत्रालयांतले संयुक्त सचीव (निशस्त्रीकरण आनी आंतरराष्ट्रीय सुरक्षा वेव्हार) Muanpuii Saiawi आनी युरोपीय संघटनेच्या शिश्टमंडळाचें फुडारपण युरोपीय विदेश वेव्हार कृती सेवाचे सुरक्षा आनी संरक्षण धोरण संचालक Maciej Stadejek हांणी केलें. समावेशक वाड आनी जागतीक बऱ्यापणा खातीर फावो अशें सुरक्षीत दर्यावेलें वातावरण तिगोवन दवरपाचे मार्ग दोनूय वटांनी विचारांत घेतले.

India Mongolia -

भारत आनी मंगोलियान आपली रणनिती भागीदारी घटमूट करपाची वचनबद्धताय परतून दाखयल्या. काल दोनूय राश्ट्रांच्या वरिश्ठ अधिकाऱ्यांनी द्विपक्षीय संबंदांचेर व्यापक नियाळ घेतलो, मुखेल क्षेत्रांतल्या सहकार्याचेर चर्चा केली आनी राजनयिक संबंदांच्या 70व्या वर्साच्या नियोजना खातीर उच्च पांवड्यावेल्या संलग्नतायेची येवजण आंखली. दोनूय देशां मदल्या द्विपक्षीय संबंदाचो नियाळ घेवपा खातीर नवी दिल्लींत विदेश वेव्हार मंत्रालयांतले सचीव जयदीप मझुमदार आनी मंगोलियाच्या विदेश वेव्हार मंत्रालयांतले राज्य सचीव Munkhtushig Lkhanaajav हांचे मदीं सल्लागार बसका जाली. द्विपक्षीय रणनिती भागीदारी आनीक घटमूट करप आनी उंचेल्या पांवड्यावेली संलग्नताय तिगोवन दवरपा विशीं दोनूय वटांनी चर्चा केली.

IPL - 60

इंडियन प्रिमियर लीग (आयपीएल) 2025 साची 18 वी आवृत्ती आयज सुरू जावपाची आसा.उद्घाटन मॅचींत डिफेंडिंग चॅम्पियन कोलकाता नाइट रायडर्स आनी रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू हांचा मदि आयज सांजवेळा कोलकाताच्या प्रतिकात्मक ईडन गार्डन्स स्टेडियमांत खेळ जातलो . सांजवेळा 7:30 वरांचेर मॅच सुरू जातली.उपरांत आयज सांजवेळार उक्तावण सुवाळो जातलो. 74 मॅचींनी 10 पंगडानचो आस्पाव आशिल्ल्या ह्या सरतीचो समारोप 25 May जाता.

IMD -

भारतीय हवामान खात्यान फाल्यां मेरेन उदेंत आनी ईशान्य भारतांत वीज पडपा वांगडाच गडगड आनी वारें येवपाचो अदमास उक्तायला . तशेंच ह्याच काळांत दक्षिण व्दीपकल्प भारताच्या जायत्या वाठारांनी गडगडा संयत पावस पडपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. हवामान खात्याचा म्हणण्या प्रमाण आयज उदेंत मध्य प्रदेश, छत्तीसगड, मध्य महाराष्ट्र, अस्तंत बंगाल, सिक्किम, बिहार, झारखंड आनी ओडिशा हांगा गडगड, वीज आनी वादळी वारें सयत हलको ते मध्यम पावस पडटलो. तशेंच आयज तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल ह्या वाठारांनी आनी कोंकण, गोंय आनी दर्यादेगेवेल्या गुजरातांतल्या कांय वाठारांनी उश्ण आनी दमट हवामानाची परिस्थिती पातळपाची शक्यताय आसा. हवामान खात्याच्या म्हणण्या प्रमाण फुडल्या तीन दिसांत उदेंत भारतात चडांत चड तापमान 3 ते 4 डिग्री सेल्सियस देंवपाची शक्यताय आसा.

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतून एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- केंद्रीय घर मंत्री अमित शाहा हाणी सांगला, कि प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या सरकारान आतंकवाद, उग्रवाद आनी नक्षलवाद सोपपाच्या वाटेर आसा.

- सुगम्य भारत अभियाना वरवीं, दिव्यांजानाक सशक्त करून, तांचो समान सहभाग सुनिश्चीत करपाचो सरकार यत्न करता, अशे राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हिणे सांगला.

- आयज संवसारीक उदका दिस मनयतात.

आनी

- इंडियन प्रिमियर लीग 2025ची, 18वी आवृत्ती आयज सावन सुरू. उक्तावणाचो खेळ कोलकाता नाइट रायडर्स आनी  रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू आड, आयज सांजे कोलकाताच्या ईडन गार्डन्स स्टेडियमांत जातलो.

इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो, आकाशवाणी पणजीच्या खबर विभागाचे, मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकूंक मेळटलें, आयज सांजे साडे स वरांचेर.   नमस्कार